**Panaji regional news**

**20 .04.2025,,, 7.20pm**

**जनसं ंपर्क श्रीपाद नायक**

सरकार आनी सामान्य जनता हांचे मजगतीं जनसंपर्क हो म्हत्वाचो भाग. लोकशाही घटमूट करपाक जनसंपर्क गरजेचो. सरकाराची उदरगत, येवजण्यो सामान्य जनते मेरेन पावोवपा खातीर जनसंपर्का बगर पर्याय ना, अशें केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हांणी म्हणलें.भारतीय जनसंपर्क मंडळाच्या (पब्लीक रिलेशन्स काव्नसील ऑफ इंडिया) गोंय विभागान गोवा मराठी पत्रकार संघाच्या सहकार्यान आयतारा राष्ट्रीय जनसंपर्क दिसा निमतान कार्यावळीचें आयोजन केल्लें. पणजी - मिरामार जाल्ले कार्यावळींत केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नायक हे मुखेल सोयरे म्हणून उलयताले. ह्या वेळार तांचे हस्तुकीं पत्रकारां वांगडा जनसंपर्का वरवीं वेवसायिकांचो भोवमान केलो. सरकार तशेंच लोकशाय कोणा खातीर आनी कित्या खातीर आसा? सामक्या सामान्य मनशा मेरेन उदरगत तशेंच कल्याणकारी येवजण्यो पावपाक जाय. सामान्य मनशाचें मत, ताच्यो आडखळी सरकारा मेरेन पावपाची गरज आसा. हाका लागून जनसंपर्क हो म्हत्वाचो, अशें तांणी मुखार म्हणलें.

खासा आमंत्रीत पत्रकार डॉ. निलेश खरे ह्या वेळार हजर आशिल्ले. जनसंपर्क कसो दवरचो? ही गजाल राजकारण्यां कडल्यान शिकची. मनीस एकठांय करप आनी लाखांनी लोकां मेरेन जनसंपर्क दवरपाची कला राजकारण्यांकूच खबर आसता.तशें नवें तंत्रज्ञान, नव्या घडामोडींची म्हायती हेरां परस राजकारण्यांक चड खबर आसता. आयज जनसंपर्का खातीर जायतीं माध्यमां उपलब्ध आसात. तरी

जनसंपर्क कितें आसता? वा जनसंपर्काची तांक कितली आसता हें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीं हांचे कडल्यान शिकपा सारकें आसा, अशें डॉ. खरे हांणी म्हणलें.ह्या वेळार पत्रकार तशेच जनसंंपर्क वाठारात वावर करपी पत्रकारांंचो भोवमान केलो.

निखील वाघ हांणी सगल्यांक येवकार दिलो. दिनेश तारे हांणी सुत्रसंचालन केलें. गोवा मराठी पत्रकार संघाचे अध्यक्ष वामन प्रभू हांणी उपकार मानले.

**इस्टराची परब**

आयज संवसारभर इस्टराची परब मनयतात. जेजू क्रिस्ताक खुर्सार मारल्या उपरांत ताचो पुनर्जिवंतपण दाखयता.देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान आनी परदेशांतल्यान इस्टराच्या उत्सवाचे अहवाल आयल्यात. हो दीस मनोवपा खातीर इगर्जांनी खाशेलें मिस करतात.आयज इस्टर फेस्ताच्या निमतान अध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू, उपाध्यक्ष जगदीप धनखर आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी शुभेच्छा दिली.सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राष्ट्रपती हांणी सांगलें, हो उत्सव नव्या आशेची आनी नवी सुरवातीची भावना प्रेरीत करता. जेजू क्रिस्ताची शिकवण मनीसजातीक मोगाचो आनी बलिदानाचो मार्ग आपणावपाची प्रेरणा दिता अशें तिणें सांगलें.ह्या आनंदाचो आनी आशेचो उत्सव सगळ्यांक शांती आनी समृध्दी हाडची अशेंय अध्यक्षान मागणें केलें

**Waves**

निर्मात्यांचो संवसार आनी तांची अर्थवेवस्था मुळाव्या बदलांतल्यान वता अशें केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. आयज नवी दिल्लींत पयलेच खेपे जावपी संवसारीक ऑडियो व्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर सभेच्या आदीं खबरां माध्यमां कडेन संवाद सादतना श्री वैष्णव हांणी

सांगलें, तंत्रगिन्यानाच्या आगमनान पोरणें मॉडेल नव्या मॉडेलाक सुवात दिता, संद तशेंच आव्हानां निर्माण करता. प्रसार माध्यम जगाचो आकार बदलत आसा अशें सांगून तांणी नव्या मॉडेलाक जाप दिवपाची एक देश म्हूण सामुहीक गरज आसा हाचेर भर दिलो. श्री वैष्णव हांणी निर्मात्याची अर्थवेवस्था व्यापकपणान वाडत आसा असो उल्लेख केला. WAVES स्वताक माध्यम आनी मनरिजवणे खातीर जागतीक मंच म्हणून विकसीत करपाक सोदता अशें मंत्री हांणी सांगलें. तांणी सांगलें, भारताच्या सृजनशील अर्थवेवस्थेक व्हड प्रमाणांत उर्बा मेळ्ळ्या, वेव्स 2025 खातीर एक लाखां परस चड नोंदणी जाल्या.म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाचे सचीव संजय जाजू हांणी प्रसार माध्यमांच्या फुडाराक आकार दिवपाक सामुहीक संवादाचें म्हत्व उक्तायलें. तांणी प्लॅटफॉर्मांचेर भागधारकां कडेन संपर्क सादपाच्या मंत्रालयाच्या वचनबद्धतेचेर भर दिलो

**आर्लेम वाठारांत मोटार सायकल स्टँडाचे उक्तावण**

मडगाव: इस्टरराच्या शुभ म्हुर्तार आज कुडतरीचे आमदार अॅलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेन्स हाणी आर्लेम हांगा टेम्पो, रिक्शा आनी मोटारसायकल स्टँडाचे उक्तावण केलें.हो स्टँड सुरू करचो म्हण बऱ्याच काळासावन मागणी आसली. आयज ती अधिकृतपणान पुराय जाली.

ह्या वेळार उलयताना आमदारान लॉरेन्स हाणी सगळ्यांक इस्टराची परबी दिली. ह्या स्टॅण्डाचो ह्या वाठारांत फुलां विकतात तांकांय मजत जातली अशे ताणी सांगले. मात ह्या स्टँडर गाड्यो पार्क करतल्यानी

येरादारीक ताची आडखळ जावची ना हाची जतनाय घेवची अशी मागणी केली.

"तुमच्या विनंती प्रमाण हांवें हें स्टँड उक्ते केलां, देखून आता बरें  भाशेन काम करात आनी हेर वाहनांक अडचणी येवची ना हाची जतनाय घेवची असो सल्लो दिलो.इतले मजगती मडगाव सयत साष्टीतल्या हेर गावांतल्या इग्रजांनी धार्मिक कार्यावळी जाल्यो. भाविकांनी एका मेकाक इस्टरच्यो पर्बी भेटयली.

**नागरी सेवा**

फाल्यां नवी दिल्लींत जावपी सतराव्या नागरी सेवा दिसा निमतान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी नागरी सेवकांक संबोधन करतले. तशेंच भौशीक प्रशासनांतल्या उत्कृश्टताये खातीर प्रधानमंत्री पुरस्कार दितले.अंदू नागरी सेवकांक जिल्ह्यांचे समग्र विकास, आकांक्षी ब्लॉक कार्यावळ आनी नवनिर्माण ह्या विभागांत श्री मोदी हांणी 16 पुरस्कार दितले.